**संसदीय एससी, एसटी कल्याण समिती गोंयच्या भेटीर येतली**

ता. 3 नोव्हेंबर 2025

संसदीय वर्गीकृत जाती आनी वर्गीकृत जमाती कल्याण समिती 6 आनी 7 नोव्हेंबर 2025 दिसा खातीर गोंय राज्याच्या अभ्यास भेटीर येतली. समिती विविध सरकारी विभाग, भौशीक यंत्रणां आनी स्वायत्त संस्थां कडल्या एससी आनी एसटी च्या निवेदनांचो अभ्यास करतली.

समिती मुख्य सचीव आनी वरिश्ठ सरकारी अधिकाऱ्यांकडेन गोंयच्या वर्गीकृत जाती आनी वर्गीकृत जमातींच्या सामाजीक-आर्थिक आनी शिक्षणीक परिस्थितीचेर चर्चा करतली. ह्या समाजांचे संविधानीक हक्क आनी कल्याणा खातीर अंमलबजावणी करपात येवपी कार्यक्रमाचो नियाळ समिती घेतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/848

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.